Panaji National

21st February 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीत  भारत मंडपमात  SOUL Leadership Conclave च्या पयल्या आवृत्तीचें उक्तावण करतले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत 98व्या अखिल भारतीय मराठी साहित्य सम्मेलनाचें उक्तावण करतले.

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांणी संवसारीक भू-राजकीय परिस्थिती कठीण आशिल्ल्याचे अधोरेखित केले.

दिल्ली सरकारान आयुष्मान भारत भलायकी विमो येवजण चालीक लावपाचो निर्णय घेतला.

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीत आयज बेंगळुरूंत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी  मुंबय इंडियन्स पंगडा आड खेळटलो.

ओडिशाची राजधानी भुवनेश्वरांत आयज हॉकी प्रो लीगांत भारतीय बायलांचो पंगड जर्मनी आड  झुजतलो. आयज सांजवेळा 7.30 वरांचेर भुवनेश्वरांत भारतीय दादल्यांचो पंगड ह्याच सुवातेर आयर्लंड आड खेळटलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत SOUL Leadership Conclave च्या पयल्या आवृत्तीचें उक्तावण करतले. भूतानाचे प्रधानमंत्री दाशो त्शेरिंग तोबगे मानाचे सोयरे म्हूण मुखेल भाशण करतले. दोन दिसांचो SOUL Leadership Conclave एक प्रिमियर प्लॅटफॉर्म म्हूण काम करतलो, जंय राजकारण, खेळ, कला आनी माध्यमां, आध्यात्मिक जग, भौशीक धोरण, वेवसाय, आनी समाजीक क्षेत्र ह्या सारक्या विंगड विंगड डोमेनांतले फुडारी आपले प्रेरणादायी जीवन प्रवासाचे आदानप्रदान करतले अशे आमचो प्रतिनिधी सांगता.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत 98व्या अखिल भारतीय मराठी साहित्य सम्मेलनाचें उक्तावण करतले. हालीं सरकारान मराठीक अभिजात भाशेचो दर्जो दिला. आयज सावन 23 फेब्रुवारी मेरेन ही परिशद चलतली आनी तातूंत चर्चा, पुस्तक प्रदर्शन, सांस्कृतीक प्रदर्शन आनी नामनेच्या साहित्यकारांची संवादात्मक सत्रां आसतलीं. हे मराठी साहित्याच्या कालातीत प्रासंगिकतेचे उत्सव मनयतले आणि समकालीन प्रवाहातल्या आपल्या भूमिकेचो शोध घेतले. भाषा संवर्धन, भाषांतर आणि साहित्यकृतींचेर डिजिटलायझेशनचो प्रभाव या संकल्पनांचो हातूंत आस्पाव आसा. ७१ वर्सां उपरांत राश्ट्रीय राजधानींत जावपी मराठी साहित्य मेळाव्यांत पुणेसावन दिल्ली मेरेनच्या प्रतिकात्मक साहित्यीक रेल्वे प्रवासाचोय आस्पाव आसा अशें आमच्या संवाददारानप्रतिनिधींन कळयलां. तातूंत १,२०० सहभागी आसतले, जे साहित्याची एकात्मिक भावना दाखयतले. तशेंच 2600 वयर कविता सादरीकरणां, 50 पुस्तक प्रकाशनां आनी 100 पुस्तक स्टॉल आसतले.

संवसारीक भूराजनीतीक परिस्थिती कठीण टप्प्यांतल्यान वता अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हळां. तशेंच पुरवण साखळी एका खाशेल्या मळा पुरती मर्यादीत आसप, वेपार आनी अर्थीक वेव्हार शस्त्रां म्हणून वापरप, डेटा प्रवाहाची पारदर्शकता हांचे विशीं तांणी हुस्को उक्तायलो. काल दक्षिण आफ्रिकेंतल्या जोहान्सबर्गांत जाल्ले जी-20 परराश्ट्र मंत्र्यांचे बसकेंत उलयतना डॉ. जयशंकर हाणी म्हळें भूराजकीयदृष्ट्या यांत्रिक बुद्धिमत्ता आणि इलेक्ट्रिक वाहनां, अंतरिक्ष, ड्रोन वा ग्रीन हायड्रोजन ह्या मळार प्रगती हांचे मदीं व्हड फरक आसा.

2027 मेरेन ईशान्येकडल्या सगल्या 8 राज्यांक रेल्वे आनी हवाई संपर्कांतल्यान दिल्लीक जोडटले अशें गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत एकता उत्सव - एक आवाज, एक राष्ट्र संबोधीत करतना शाह हाणी पर्यटन ते तंत्रगिन्यान, खेळां ते अंतरिक्ष ह्या दरेका क्षेत्रांत ईशान्येक केंद्र सरकारान जायते मार्ग उक्ते केल्यात हाचेर भर दिलो. एनडीए सरकारा खाला ईशान्य वाठारांत हिंसक घडणुकांनी 70 टक्के उणाव आनी नागरीकांच्या मरणांत 85 टक्के उणाव जाल्ल्यान ह्या वाठारांत शांतताय स्थापन जावपा वांगडाच सांस्कृतीक उदरगतूय सुरू आसा अशें तांणी सांगलें.

केंद्रीय वीज मंत्री मनोहर लाल हांणी काल नवी दिल्लींत वीज क्षेत्राची प्रादेशिक बसका घेतली आनी तातूंत दिल्ली, हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, मध्य प्रदेश, पंजाब, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंड ह्या राज्यांच्या प्रतिनिधींनी वांटो घेतलो.

देशांतल्या वीज क्षेत्राची एकंदर वाड करपा खातीर वितरण क्षेत्राची अर्थीक कार्यक्षमताय म्हत्वाची अशें मत वीज राज्यमंत्री श्रीपाद येसो नायक हांणी भागधारकांक संबोधीत करतना उक्तायलें. 2047 मेरेन भारतान विकसीत राष्ट्र जावपाच्या ध्येयांत वीज क्षेत्राची म्हत्वाची भुमिका आसा, जाचे खातीर नवीकरणीय तशेंच अणुकेंद्रीय उर्जेचे स्त्रोत आनीक एकठांय करपाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें. उत्तर राज्यांच्या सहभागान मंत्रालयान प्रादेशिक पांवड्यार ही बसका घडोवन हाडिल्ली.

दिल्ली सरकारान आयुष्मान भारत भलायकी विमो येवजण चालीक लावपाचो निर्णय घेतला. दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हाणी काल सांजवेळार दिल्ली सरकारच्या पयल्या मंत्रिमंडळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबळ्या उपरांत पत्रकारांक माहिती दितना हे सांगले. आयुष्मान भारत येवजण आनी 5 लाख रुपया टॉपअप करपाक दिल्ली सरकारान मान्यताय दिल्या अशें तांणी सांगलें. हें बेगीनूच चालीक लावपाक मेळटलें. विधानसभेचे पयले बसकेंत 14 कॅग अहवाल सादर करतले अशें तांणी सांगलें.

ती सामान्य प्रशासन, सेवा, अर्थ, महसूल, बायलां आनी भुरग्यांचो विकास, जमीन आनी इमारत, म्हायती आनी जनसंपर्क, जागृताय, प्रशासकीय सुदारणा, नियोजन आनी हेर खातें सांबाळटली, जाल्यार आशीष सूद घर, वीज, शार उदरगत, शिक्षण आनी उच्च शिक्षण आनी प्रशिक्षण आनी तंत्रीक शिक्षण खातें हाताळटलो अशें दिल्लीच्या मुखेलमंत्र्यांनी जाहीर केलां. प्रवेश वर्माक पीडब्ल्यूडी, कायदे वेव्हार, शिंपणावळ आनी हुंवार नियंत्रण, उदक आनी गुरूद्वारा वेंचणुकेचो प्रभार दिला. सरदार मंजिंदर सिंग सिरसा हांकां अन्न आनी पुरवण, रान आनी पर्यावरण आनी उद्देग विभाग, डॉ. कपिल मिश्राक कायदो आनी न्याय, कामगार खातें, रोजगार, उदरगत, कला आनी संस्कृताय, भास आनी पर्यटन खातें हांचो प्रभार दिला.

वेगवेगळ्या देशांतल्या संघर्शाक लागून शाश्वत विकासाचे उद्धिष्टा साध्य करप आव्हानात्मक जालां अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. काल पुण्यांत जाल्ल्या सव्या वर्सुकी आशिया अर्थीक संवादाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना तांणी म्हणलें, वीज, उदक, रस्ते अशा मुळाव्या सुविधां बगर उदरगत जावंक शकना. फाटल्या 11 वर्सांत सरकारान ह्या मुळाव्या सुविधांनी सुदारणा करपाच्या मळार म्हत्वाची प्रगती केल्या अशें तांणी सांगलें.

ऑस्ट्रेलिया, इजिप्त, इंडोनेशिया, जपान, नेपाळ, नेदर्लंड्स, सिंगापोर, दक्षिण आफ्रिका आनी श्रीलंकेचे धोरण निर्माते, शिक्षणतज्ञ आनी उद्देग तज्ञ तीन दिसांच्या परिशदेंत वांटो घेतात.

परराश्ट्र मंत्रालय आनी पुणे आंतरराश्ट्रीय केंद्रान संयुक्तपणान ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या.

राज्यांतल्या एनिमेशन, व्हिज्युअल इफेक्ट्स, गेमिंग, कॉमिक्स, आनी एक्सटेंडेड रियलिटी (एव्हीजीसी-एक्सआर) क्षेत्राक चालना दिवपा खातीर नागालँड सरकारान कार्यदळ स्थापन करपाचो निर्णय घेतला. काल कोहिमांत मुखेल सचीव डॉ.जे आलम हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले बसकेंत हो निर्णय घेतला. केंद्र सरकारान एव्हीजीसी-एक्सआर उद्देगांचेर लक्ष केंद्रीत केला. वेगवेगळे प्रशासकीय विभाग मुखेली, विभाग मुखेली, आनी मुखेल भागधारक खात्यांतले अधिकारी हाजीर आशिल्ले हे बसकेंत राज्यांतल्या एव्हीजीसी-एक्सआर क्षेत्राची उदरगत करपा खातीर व्यापक रणनितीचेर चर्चा करपाचेर भर दिल्लो. नव्यान स्थापन केल्ल्या कार्यदळांत सगळ्या संबंदीत खात्यांतले प्रतिनिधी आसतले, जातूंत म्हायती आनी जनसंपर्क खातें नोडल विभाग म्हणून काम करतलें. कार्यदळ ई क्षेत्राची वाड आनी उदरगत मार्गदर्शन करपा खातीर धोरणात्मक चौकटी तयार करपाची जापसालदारकी आसतली.

इंडियन सुपर लीग (आयएसएल) 2024-25 सर्तींत काल रातीं कोलकातात जाल्ल्या खेळांत जमशेदपूर फुटबॉल क्लबान मोहम्मदन स्पोर्टिंग क्लबाचेर (एससी) 2-0 अशी मात केली. सर्तींत मोहन बागान सुपर जायंट आनी एफसी गोंय हाणी पयलींच प्लेऑफांत पात्रताय मेळयल्या. जमशेदपूर एफसी गुणतक्तयार तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा. मोहम्मडन एससी पंगड फाटीं आसा.

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत आयज बेंगळुरूंत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी मुंबय इंडियन्स पंगडा आड खेळटलो. ही मॅच सांजवेळा 7.30 सावन जातली. स्मृती मनधनाच्या फुडारपणा खाला रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू सगळ्यो मॅची जिखून गुणतालिकेत पयल्या क्रमांकाचेर आसा. हरमनप्रीत कौरच्या फुडारपणा खाला मुंबय इंडियन्स एक जैत आनी एक हार मेळून तिसरे सुवातेर आसा.

ओडिशाची राजधानी भुवनेश्वरांत आयज हॉकी प्रो लीगांत भारतीय बायलांचो पंगड जर्मनी आड झुजतलो. ही मॅच सांजवेळा 5.15 वरांचेर सुरु जातली. सलीमा तेतेच्या फुडारपणा खाला भारतीय पंगड सध्या चार गूण मेळोवन गूणतक्तयार आठवे सुवातेर आसा. आयज सांजवेळा 7.30 वरांचेर भुवनेश्वरांत भारतीय दादल्यांचो पंगड ह्याच सुवातेर आयर्लंड आड खेळटलो. हरमनप्रीत सिंगाच्या फुडारपणा खाला भारतीय पंगड चार मॅचींनी स गूण मेळोवन गूण मेळाव्यांत सातव्या सुवातेर आसा.